राष्ट्रीय खबरो      10.०७.२०२५ @ ६.३०

Dhankar 80

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हाणी आज नवी दिल्लीत जवाहरलाल नेहरू विद्यापीठात भारतीय ज्ञान प्रणालीं वेल्या परिषदेचे उक्तावण केले. या कार्यक्रमात उलयताना उपराष्ट्रपतींनी अधोरेखित केले की युरोपातली विद्यापीठां अस्तित्वात येवपाच्या खूप पयलीसावन भारतातल्या विद्यापीठांनी स्वतः क शिक्षणाची समृद्ध केंद्रां म्हण स्थापित केल्ले त्यांनी मुखार म्हळे की प्राचीन भारत बौद्धिक जीवनाची तेजस्वी केंद्र आशिल्लो. हातुंत तक्षशिला, नालंदा, विक्रमशिला, वल्लभी आणि ओदंतपुरी यांचा आसपाव आसा. या संस्थांक ज्ञानाचे उंच किल्ले म्हणत उपराष्ट्रपतींनी नमूद केले की या केंद्रांच्या ग्रंथालयांनी ज्ञानाचो विशाल महासागर आशिल्लो, जातुन हजारांनी हस्तलिखिता आशिल्ली

PM 85

घाना, त्रिनिदाद आणि टोबॅगो, अर्जेंटिना, ब्राझील आणि नामिबिया या पाच देशांच्या दौऱ्या उपरांत प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लीत परतले. आपल्या दौऱ्या वेळार तांणी भारता वांगडचे संबंध अधिक मजबूत करण्याबाबत चर्चा करपाक या देशांच्या मुखेल्यांकडे संवाद साधलो.  मोदी हांणी रिओ दि जानेरोत जाल्या ब्रिक्स शिखर परिषदेकुय उपस्थित रावुन वांटो घेतलो. या भेटींचे उद्दिष्ट दक्षिणेकडच्या जागतिक स्तराचेर भारताचे बंध अधिक मजबूत करप अटलांटिकच्या दोनुय वटेन भागीदारी घटमुट करप आणि ब्रिक्स, आफ्रिकन युनियन, इकोवास आणि कॅरिकॉम सारख्या बहुपक्षीय व्यासपीठांमदी संबंध अधिक दृढ करप आसी. ग्लोबल सावथा विशी उलयताना मोदी हांणी म्हळे की

Sitharaman 80

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण यांनी अधोरेखित केले  की नॉन-बँकिंग वित्तीय कंपन्यो MFBC च्या कर्ज वसुलीच्या पद्धती निष्पक्ष, सहानुभूतीपूर्ण आणि आदरयुक्त पद्धतीन आसपाक जाय, तशेच आरबीआयचे फेअर प्रॅक्टिसेस कोड काटेकोरपणान सुसंगत आसचे. नवी दिल्लीत NFBC symposium 2025 त उलयताना त्यांनी हे सांगले. वित्तीय समावेशन हे आर्थिक शोषणाचे निमित्त म्हणून वापरू  शकना अशे ताणी म्हणले. रिण दिवप  हे गिरायकांच्यो खरयो गरजो आणि परतफेड क्षमतेर आधारित आसपाक जाय अशेय त्यांनी सांगले. कर्ज आक्रमकपणान विकले वचचे न्हय आणि व्यक्तींचेर लादचे न्ह्य आणि व्याजदर रास्त आसचे अशेय सीतारमण यांनी नमूद केले.

पूल 40

गुजरातांतल्या वडोदरा जिल्ह्यांतलो पूल कोसळिल्यान मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो उपरांत 12 मेरेन पावला. काल पद्रा शारा लागसार आशिल्ल्या गंभीरा गांव लागसार चार दशकां पोरन्या पुलाचो एक भाग कोसळ्ळ्या उपरांत जायत्यो गाडयो महिसागर न्हंयत बुडल्यो. घडणुकेच्या सुवातेर अजूनय बचाव यत्न चालू आसा.

sports

**फुटबॉल फिफा विश्वचषक 2025 सर्तींत काल न्यू जर्सीच्या मेटलायफ स्टेडियमाचेर जाल्ल्या उपांत्य फेरयेंत पॅरिस सेंट जर्मनान रियल मॅड्रिडाचो 4 आड शून्य असो पराभव केलो . ह्या जैताक लागून आयतारा न्यू जर्सीच्या मेटलायफ स्टेडियमाचेर जावपी जेतेपदाच्या मॅचींत पीएसजी चेल्सी आड खेळतले .**

Imd 30

भारतीय हवामान विभाग (IMD)न मुखावेल्या २४ वरांखातीर दिल्ली आणि लगीच्या NCR प्रदेशात आणि पंजाबात पावसाचो ऑरेंज अलर्ट जारी केला. आकाशवाणी न्यूजकडे खासा संवाद साधताना, IMD चे वरिष्ठ शास्त्रज्ञ आर के जेनामानी यांनी माहिती दिली की